**कृशी धोरणाखातीर  शेतकांर, शेतकरी संस्थां आनी सर्वसामान्य जनतेकडल्यान सुचोवण्यो आयकुन घेवपाक बसकांचे आयोजन**

ता. 13 ऑक्टोबर 2023

गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान गोंय राज्याखातीर कृशी धोरण तयार करपाची प्रक्रिया सुरू केल्ली आसा. कृशी संचालनालयान गोंय राज्य कृशी धोरण तयार करपाखातीर शेतकांर, शेतकांराचे पंगड, शेतकरी संस्थां आनी सर्वसामान्य जनते कडल्यान सुचोवण्यो आयकुन घेवपा खातीर राज्यांत सगळ्यां तालुक्यांनी बसकांचे आयोजन केला.

धारबांदोडा तालुका- 17 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.00 वरांचेर विभागीय कृशी कार्यालय, धारबांदोडा, मुरगांव तालुका- 18 ऑक्टोबराक सकाळीं 11.00 वरांचेर विभागीय कृशी कार्यालय, मुरगांव, फोंडे तालुका- 19 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.00 वरांचेर फोंडा मार्केट यार्ड, ब्लॉक-डी, फोंडें. सत्तरी तालुका-19 ऑक्टोबराक दनपारां 2.30 वरांचेर विभागीय कृशी कार्यालय, वाळपय, काणकोण तालुका- 19 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.30 वरांचेर  मामलेदार कार्यालय सभाघर चावडी काणकोण, दिवचल तालुका- 20 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.30 वरांचेर विभागीय कृशी कार्यालय, दिवचल, तिसवाडी तालुका- 20 ऑक्टोबराक दनपारां 2.30 वरांचेर आजोशी मंडूर पंचायत सभाघर, बार्देस तालुका- 20 ऑक्टोबराक दनपारां 3.00 वरांचेर विभागीय कृशी कार्यालय, म्हापशें, केपे तालुका- 26 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.00 वरांचेर केपे नगरपालिका सभाघर, केपे, सांगे तालुका- 26 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.00 वरांचेर सांगे नगरपालिका सभाघर, सांगे, साश्ट तालुका- 27 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.00 वरांचेर कृशी विज्ञान केंद्र, मडगांव आनी पेडणे तालुका-30 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.00 वरांचेर विभागीय कृशी कार्यालय, पेडणे हांगा बसका जातली.

सगळ्यां संबंदीतांनी आपल्या तालुक्यात जावपी बसकेक उपस्थित रावन कृशी धोरणाचेर आपल्यो सुचोवणयो मांडच्यो, अशें कृशी खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/802

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.